# मॉन्सूनपूर्व तयारीचो बसकेत नियाळ

ता. 23 एप्रिल 2025

महसूल सचीव आनी राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणाचे अध्यक्ष श्री संदीप जॅकीस हांणी आयज पर्वरे सचिवालयांत सरकारी खात्यांच्या अधिका-यांची बसका घेवन मान्सूनपूर्व तयारीच्या कामांचो आनी उपाय येवजणांचो नियाळ घेतलो. मॉन्सून हंगामात साबार आव्हानांक तोंड दिवचे पडटा. अशी आव्हानां कमी करपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी वेळार उपाय आनी तयारी करपाची गरज श्री. जॅकीस उक्तायली.

मॉन्सूनाच्या काळांत गोंयांत निर्माण जावपी कसल्याय आपत्कालीन परिस्थितीक तोंड दिवपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी तयार रावपाची आनी कसल्याय आपत्तीच्या वेळार जीव तशेंच मालमत्ता वाचोवपा खातीर कर्मचाऱ्यांक आवश्यक प्रशिक्षण दिवन तयार दवरपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

सध्या गर्मीच्या त्रासापासून बचाव करपा खातीर उपाय आनी खबरदारी घेवपा बाबातीत लोकांमदी जागृताय करप, हॉस्पिटलांनी वीज पुरवण सुरळीत दवरप, उदका पुरवण सुरळीत दवरप, रान वाठारांनी उज्याच्यो घडणूको टाळपाखातीर उपाय करप, पार्क, अभयारण्य आनी रान वाठारांनी जनावरां खातीर पिवपाच्या उदकाची उपलब्धा पळोवप, शाळांनी पिवपाचे उदक उपलब्ध करप, सावळे खातीर शेड उबारप, मनरेगा आनी बांदकाम कामगारां खातीर कामाच्या थळार शेड उबारप, वृध्दाश्रमांनी आवश्यक उपाय करप अशां साबार विशयांचेर बसकेत चर्चा जाली.

मॉन्सूनात पूर येवप, झाडां पडप, पालसणां कोसळवप ह्या सारख्या सैमीक आपत्तीच्यो घडणूको घडटाट. तशेंच चिऱ्याच्या खणींनी बुडपाच्यो घडटात. थंय आवश्यक उपाय करपाची गरज आसा. मोडपाक आयिल्ल्या लायटीच्या खांब्याचो सोद घेवन थंय नवीन खांबे घालपाची गरज आसा, अशों साबार आपत्तीच्यो घडणूको टाळपा कातीर आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणांनी 24X7 अशा तरेन सक्रिय रावपाक जाय, अशेंय श्री. जॅकीस हांणी सांगलें.

दोनीय जिल्ह्यांनी आपत्ती वेवस्थापन नियंत्रण कक्ष स्थापन केल्ले आसात. श्री जॅकीस हांणी SACHET मोबाइल ॲप सुरू करपाचीय सूचोवणी केली.

बसकेत नियंत्रण कक्षांचे कामकाज, पूर येवपाचे आनी पालसणां कोसळपाचे वाठांर, आपत्तीच्या वेळार स्थलांतरण येवजण आनी स्मार्ट सिटीच्या कामांविशीं चर्चा जाली.

महसूल खात्याचे जोड सचीव श्री सुरेंद्र नाईक हांणी बसकेक उपस्थित आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांक येवकार दिलो. महसूल खात्याचे अवर सचीव श्री. संदीप गावडे हांणी आपत्तीच्या वेळार घेवपाच्या उपायांचेर सादरीकरण केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/388

---

Issued by

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.